**मुख्यमंत्र्यान शिकाऊ उमेदवार प्रशिक्षण येवजणेचो नियाळ घेतलो**

ता. 14 जून 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज उच्च पावंड्यावयल्यां देखरेख आनी सल्लागार समितीच्या बसकेत गोंय मुख्यमंत्री शिकाऊ उमेदवार प्रशिक्षण येवजण 2021 चो नियाळ घेतलो. बसकेत येवजणेच्या वेगळ्या वेगळ्या बाबींचेर चर्चा जाली. गोंय क्रातीदिसा सरकार ह्या येवजणेच्या अंमलबजावणीची घोशणा करपाचे आसा.

गोंय मुख्यमंत्री शिकाऊ उमेदवार प्रशिक्षण येवजण 2021 च्या माध्यमातल्यान सरकाराक प्रशासनात प्रशिक्षीत आनी कुशळ मनीसबळ उपलब्ध करप शक्य जातले. प्रत्येक सरकारी खात्याक तशेंच खाजगी आस्थापनांक आवश्यक आशिल्ल्या गरजेप्रमाण प्रशिक्षीत आनी कुशळ मनीसबळ तयार करपाखातीर सविस्तर अहवाल तयार करपात येतलो आनी त्या प्रमाण सरकारी विभागांनी आनी आस्थापनांनी मनीसबळाची भरती करपात येतली.

गोंय मनीसबळ विकास महामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. नारायण नावती हांणी ह्या येवजणेचो लाव घेवपाखातीर आतामेरेन सुमार 30 कंपन्यांनी/आस्थापनांनी महामंडळाकडेन करार करपाची प्रक्रिया सूरू केल्ल्याची बसकेत म्हायती दिली. ह्या येवजणेखातीर जुलय मेरेन ऑनलायन नोंदणी पोर्टल सूरू करपात येतलो. ह्या पोर्टलाचेर वेगवेगळ्या आस्थापनांची म्हायती अपलोड करपात येतली.

श्री. प्रविण वळवटकर हांणी येवजणेविशी सविस्तर म्हायती दिली.

बसकेत येवजणेचे कार्यकाळ, विद्यावेतन, पात्रताय अशां विशयांचेरय चर्चा जाली.

कामगार आनी रोजगार आयुक्त श्री. राजू गावस, कामगार आनी रोजगार खात्याचे संचालक श्री. दिपक देसाय. महामंडळाचे संचालक श्री. सर्वेश परब आनी हेर अधिकारी बसकेक हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/531

--
Issued by Department of Information & Publicity